# <u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं</u>

ता. 11 ऑक्टोबर 2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो हो खास उत्सव आसा जो आमच्या देशांत व्हडा उमेदीन आनी अध्यात्मिक भावनेन मनयतात. दसऱ्याच्या उत्सवान णव दिसांच्या नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. दसऱ्याचो उत्सव हो बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. हो उत्सव आमची राष्ट्रीय एकात्मता मजबूत करता आनी विविधतायेत एकता ह्या संकल्पनेचेर आमची श्रध्दा अतूट आसा, हाची खात्री दिता. आयज जेन्ना संवसार असहिष्णुताय, दुस्वास आनी हिंसात्मक वायट घडणूकांनी पिडिल्लो आसतना आमी सहिष्णूता, भावपण आनी शांतीकायेच्या मुल्यांप्रती कटीबद्द जावया.

दसऱ्याचो हो उत्सव आमी उत्साह आनी नव्या उमेदीन मनोवया, जेणे करून एकवटीत रावपाक आनी खुशालकायेची आनी परिपूर्ण जीण जगपाक मजत जातली.

दसऱ्याच्या उत्सवाचो हो शुभ प्रसंग गोंयच्या लोकांक समृध्दी आनी शांतीकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/566

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.